**पावसाळ्यात लागवडीखातीर बियाणें, यंत्रां अनुदानीत किंमतीत उपलब्ध**

ता. 24 मे 2024

गोंय सरकारच्या कृशी संचालनालयान पावसाळ्यात खरीप पिकांच्या लागवडीखातीर बियाणें, यंत्रां, कलमां आनी हेर लागवडीचे साहित्य उपलब्ध केल्ले आसा. कृशी संचालनालयान राज्यांतल्या सगळ्यां विक्री केंद्रांचेर पन्नास टक्के अनुदानीत किंमतीत जया, ज्योती आनी कर्जत भाताचे बियाणें उपलब्ध केला. खात्यान शेतकारांक प्रत्येक तीन वर्सांनी भाताचे बियाणें बदलपाचोय सल्लो दिला.

खात्यान तरेकवार भाज्यांचे बियाणेंय पन्नास टक्के अनुदानीत किंमतीत उपलब्ध केल्ले आसा. विभागीय शेती कार्यालयावतीन शेतकारांक शेत नांगरणी आनी लागवडीखातीर अनुदानीत किंमतीत ट्रॅक्टर उपलब्ध केला. कृशी यंत्रां शेतकरी पंगड आनी संस्थांनी स्थापन केल्ल्या गिरायक सेवा केंद्रामार्फत दितात.

तशेंच खात्याच्या नर्सरीनीं सवाय दरात कवाथे, आंबो, काजू, पेर, चिकू आनी हेर फळझाडांची कलमां विकपाक उपलब्ध आसात. शेतकारांनी चड म्हायती खातीर लागीच्या विभागीय कृशी कार्यालयांत संपर्क करचो. शेतकारांनी शेती खात्याच्या उपलब्ध येवजणांचो लाव घेवन पावसाळ्यात तरेकवार पिकांची लागवड करून भरघोस पीक घेवपाचो सल्लो खात्यन दिला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/241

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.